*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**<u>श्री. सत्यपाल मलीक हांका गोंयच्या राज्यपाल पदाचो सोपूत</u>**

ता. 3 नोव्हेंबर 2019

गोंयचे नवनियुक्त राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांका आयज राजभवनार जाल्ल्या सोपूतविधी सुवाळ्यात मुंबय उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश प्रदीप नंद्राजोग हांणी गोंयच्या राज्यपाल पदाचो सोपूत दिलो.

सुरवातीक मुख्य सचीव श्री. परिमल राय हांणी श्री. सत्यपाल मलीक हांची गोंयचे राज्यपालपदी नियुक्ती जाल्ल्याचो आदेश वाचलो. राष्ट्रपती श्री. रामनाथ कोविंद हांणी 25 ऑक्टोबर 2019 दिसा श्री. मलीक हांची गोंयचे राज्यपाल म्हुण नेमणूक केल्ली.

सोपूत सुवाळ्या उपरांत पुलीस पंगडान राज्यपालाक मानवंदना दिली.

सोपूतविधी सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, उपमुख्यमंत्री श्री. चद्रकांत (बाबू) कवळेकर, , सभापती श्री. राजेश पाटणेकर, विरोधी नेते श्री. दिगंबर कामत, भलायकीमंत्री श्री. विश्वजीत राणे, भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दीपक पावसकर, कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे, बंदरां खात्याचे मंत्री श्री. मायकल लोबो, नगरविकास मंत्री श्री. मिलिंद नाईक, , आमदार श्री. सुदीन ढवळीकर, श्रीमती ऐलिना साल्डाना, श्री. निळकंठ हळर्णकर, जोशुआ डिसौझा, एडव्होकेट जनरल श्री. देविदास पांगम, हेर सरकारी सचीव, अधिकारी, उद्देगपती आनी नागरीक उपस्थीत आशिल्ले.

म्हा /सप/ जाॅआ/ विगां/ 2019/764